# **<u>शेतकारांनी भाताचें तण, हेर अवशेष जळोवचें न्हय-शेतकी खात्याची कळोवणी</u>**

ता. 6 नोव्हेंबर 2024

भात, कड्डुणां, ऊस ह्या सारख्या पिकांची लुंवणी जाल्या उपरांत शेतांनी आनी शेतां भायर व्हडा प्रमाणात तण, खूंट, मुळां आनी हेर अवशेष/कोयर निर्माण जाता. शेतकांर आपल्या शेतांनी दुसऱ्या पिकाची लागवड करपाक शेत जमीन निवळ करपा खातीर अशें तण, खूंट, मुळां आनी हेर अवशेष/कोयर जळयतात आनी ताकां लागून वातावरण प्रदुशीत जाता. हवा प्रदुशीत जाल्ल्यान मनीस आनी जनावरांच्या भलायकेक त्रास जाता, तशेंच जमनीची सुपिकताय लेगीत कमी जाता.

शेतांतले तण आनी हेर अवशेष लाशिल्ल्यान जावपी प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळान भाताचें तण आनी हेर कृशी अवशेष कोयराचे वेवस्थापन करपा खातीर निर्देश दिल्यात.

गोंयांत सध्या लुंवणीचो हंगाम सुरू जाल्लो आसा आनी प्रदुशण मंडळाच्या निर्देशा प्रमाण कृशी संचालनालयान पर्यावरणातले प्रदुशण टाळपा खातीर गोंयच्या शेतकारांक आपल्या शेतांनी तयार जावपी तण आनी हेर अवशेष कोयर जळोवपाचे बंद करपाक सांगला. तशेंच शेतकारांनी तण जळोवपाचे सोडून ताचेर योग्य प्रक्रिया करची वा उपेग करचो. शेतकारांनी आपल्या शेत जमनीची सुपिकता वाडोवपाक, जनावरांक खावड तयार करपाक, अळमी लागवड करपाक, इंधन तयार करपा खातीर करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/613

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.